# मुख्यमंत्र्यान पत्रादेवी हांगा हुतात्म्यांक आर्गां ओपली

ता. 15 ऑगस्ट 2025

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी आयज पत्रादेवी पेडणे हांगाच्या हुतात्मा स्मारका लागी आयोजीत स्वातंत्र्य दीस सुवाळ्यात राष्ट्रीय तिरंगो बावटो हुबयलो आनी उपरांत हुतात्मा स्मारकाक पुष्पचक्र अर्पण करून स्वातंत्र्य सैनिक आनी हुतात्म्यांक आर्गां ओपली.

स्वातंत्र्य दीस सुवाळ्यात उलयतना मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी पत्रादेवीच्या हुतात्मा स्मारकाचें काम 19 डिसेंबर मेरेन पुराय जातले आनी हुतात्मा स्मारकाचें काम पुराय जाले उपरांत थळार स्वातंत्र्य सैनिकांची म्हायती प्रदर्शीत करतले, अशें सांगलें. देशाच्या स्वातंत्र्या खातीर बलिदान दिल्ल्या स्वातंत्र्य सैनिकांचो उगडास करून तांकां नमन करपाक स्वातंत्र्य दीस हो योग्य प्रसंग आशिल्ल्याचेय मुख्यमंत्र्यान म्हटलें.

फुडें उलयतना मुख्यमंत्र्यान विकसीत भारत 2047 चो संकल्प पुर्ण करपा खातीर लोकांनी राज्य आनी केंद्र सरकाराक सहकार्य करपाचो उलो मारलो. मेक इन इंडिया संकल्पनेचो उल्लेख करून मुख्यमंत्र्यान लोकांक स्वदेशी उत्पादनांचो वापर करून देशाक आत्मनिर्भर करपाक योगदान दिवपाचे आवाहन केले.

भारत देश आयज विकासाच्या मळार नेटान पावलां मारीत आसा आनी संवसारांतले एक शक्तीशाली राष्ट्र म्हूण फुडें येता. राज्यांतल्या महामार्गांच्या विकासा खातीर सरकारान 35 हजार कोटी खर्च केल्ल्याचेय सांगलें.

सुवाळ्याक आमदार प्रविण आर्लेकर, गोवा दमण दीव स्वातंत्र्य सैनिक संघटनेचे अध्यक्ष श्री. रोहिदास देसाय, तोर्से पंचायतीच्यो सरपंच छाया शेट्ये, उत्तर गोंय जिल्हाधिकारी श्री. अंकीत यादव, हेर स्वातंत्र्य सैनिक, सरकारी अधिकारी आनी नागरीक उपस्थित आशिल्लें. कु. उत्कर्षा भोस्कुटे हांणी कार्यक्रमाचे सुत्रसंचालन केले.

म्हा /सप/ / विगां/ 2025/694

--

---------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.